राष्ट्रीय खबरो 17.06.2025 @ 6.30 pm

धनखड 85

उप राष्टपती जगदीप धनखड हाणी भर दिला की विकसित भारत हे फक्त एक स्वप्न ना तर एक निश्चित ध्येय आसा जे एका घटमूट ज्ञान अर्थव्यवस्थेन समर्थित आसा. पॉंडिचेरी विद्यापीठातले विद्यार्थी, प्राध्यापक आणि कर्मचारी हांचेकडे संवाद साधताना त्यांनी देशाक विकसित भारताकडे व्हरपाक प्रमुख भागधारक म्हणून तरुण आणि विद्यार्थ्यांची महत्त्वाची भूमिका अधोरेखित केली. शिक्षणाचे महत्त्व अधोरेखित करताना, उपराष्ट्रपतीन म्हणले की शिक्षण हे असमानता नष्ट करपी एक उत्तम समानता आसा अशे म्हळे. पुण शिक्षणाचे व्यापारीकरण आणि व्यापारीकरणा आड शिटकावणी दिल्या.भारताच्या पारंपारिक गुरुकुल व्यवस्थेत रुजलेल्या मूल्यांकडे परत वचपाचे आवाहन ताणी केले. Byte

वैष्णव 140

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज हरियाणाच्या मानेसरांत भारतांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या गतिशक्ती मल्टी मोडल कार्गो टर्मिनलाचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार वैष्णव हांणी 45 एकरांचेर पातळिल्ल्या कार्गो टर्मिनलाचेर 4 लाख 50 हजार वाहनां व्हरूंक मेळटात अशें स्पश्ट केलें. आतां 108 मल्टीमोडल कार्गो टर्मिनल तयार आसात आनी बेगीनूच सेवा सुरू जातली अशें तांणी नदरेक हाडलें, ताका लागून सरकाराची मल्टीमोडल नेटवर्काचे सपन साकार जातली. ही प्रक्रिया सोपी करपा खातीर 2021 वर्सा हाडिल्ल्या सुदारणांक लागून सरकाराक थोड्याच काळांत हें साध्य करप शक्य जालें अशें तांणी सांगलें.

रेल्वेची उदरगत, आनी नितळसाण सुदारप, आनी ती चड सुलभ करपा खातीर सरकारान घेतिल्ल्या वेगवेगळे उपायांचेरूय तांनी भर दिलो. त्यांनी सांगले की फाटले वर्स भारतीय रेल्वेसाखातीर महत्त्वपूर्ण आशीलले कारण २०२४ त ७२० कोटी प्रवाशांनी प्रवास केला तर एक हजार ६०० दशलक्ष टनांपरस अधिक

मालवाहतूक जाली . भारतीय रेल्वे जगातील दुसऱ्या क्रमांकाची मालवाहतूक क्षमता आणि प्रवासी वाहतूक क्षमता अशीलली रेल्वे जाली

रेखा 80

दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता ह्यांनी आयज राष्ट्रीय राजधानींत 33 आयुष्मान आरोग्य मंदिर आनी 17 जन औषदि केंद्राचें उक्तावण केलें. फुडल्या 8 म्हयन्यांत म्हणल्यार फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन 1,100 वयर आयुष्मान आरोग्य मंदिरांचें उक्तावण जातलें अशें मुख्यमंत्र्यानी ह्या वेळार उलयताना सांगले.

भ्रष्टाचारा आरोपांचेर आणि दिल्लीतील ईबाडलेल्या भलयकी मुळावी सुविधांबद्दल त्यांनी आदल्या आम आदमी पक्षाच्या फुडारपणा खालच्या दिल्ली सरकारचेर टीका केली. कायम स्वरूपी रचणूक आनी गरजेच्यो सुविधा आशिल्ल्या आरोग्य मंदिरांत म्हत्वाच्यो प्राथमीक भलायकी सेवा दितले आनी आदल्या मोहल्ला क्लिनीकां परस व्हड सुदारणा जातली अशें तिणें सांगलें. **(byte)**

इराण 30

इराण मदल्या भारतीय दूतावासान केल्या व्यवस्थेवरवी सुरक्षेच्या कारणाक लागुन तेहरानातल्या भारतीय विद्यार्थ्यांक शारा भायर हालयल्यात. परराष्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणाला की, येरादारीच्या बाबतीत स्वयंपूर्ण आशिल्या हेर रहिवाशांकुय विकसनशील परिस्थिती लक्षात घेवन शारा भायर वचपाचो सल्लो दिला

हॉकी 35

40 वर्सां वयर दादले आनी 35 वर्सां वयर बायलां खातीर खातीर हॉकी इंडिया मास्टर्स कप फाल्यां मेयर राधाकृष्णन हॉकी स्टेडियमांत चेन्नयांत सुरू जाता. धा दिसांच्या सर्तींत फाल्यां जावपी उक्तावण मॅचींत हिमाचल प्रदेश आनी महाराष्ट्र हांचे मदी खेळ जातलो.

Imd 55

भारतीय हवामान खात्यान आयज सौराष्ट्र आनी कच्छ वाठारांत खूब व्हड ते अत्यंत व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास काडला. फुडल्या 24 वरांत सौराष्ट्र, कच्छ, अस्तंत बंगाल, ओडिशा, बिहार, झारखंड आनी देशांतल्या हेर कांय वाठारांनी खर वाऱ्या वांगडा व्हडा प्रमाणात पावस चालू उरतलो. आयज बिहार, झारखंड, मध्य प्रदेश आनी राजस्थानांतल्या कांय सुवातींनी गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां.